**Akashwani Panaji National 8.40 AM 8 March 2025**

आंतरराष्ट्रीय बायलां दिसा निमतान आयज गुजरातांतल्या नवसारी जिल्हयांतल्या वनसी बोर्सी गांवांत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी लखापती दीदी कार्यावळींत वांटो घेतले. प्रधानमंत्री हयावेळार लखपती दीदीं कडेन संवाद सादतले. तशेंच 5 लखपती दीदीक प्रमाणपत्रां दितले. प्रधानमंत्री हया कार्यावळींत गुजरात सरकाराच्या जी-सफल म्हळ्यार उदरनिर्वाह वाडोवपा खातीर अंत्योदय कुटुंबां खातीर गुजरात येवजण आनी जी-मैत्री म्हळ्यार ग्रामीण उत्पन्नांत बदल करपा खातीर जन गुजरात मार्गदर्शन आनी प्रवेग कार्यावळीची सुरवात करतले."आयज नवसारीच्या वनसी बोर्सींत जावपी लाखपती दीदी सम्मेलनांत नवसारी, वालसाद आनी दांग जिल्हयांतल्या 1 लाखां वयर बायलां वांटो घेतलीं. हया कार्यावळी वेळार प्रधानमंत्री गुजरातांतल्या 25 हजारां वयर आपामजत गटांतल्या बायलांक ₹450 कोटी परस चड मोलाची मजत दितले. गुजराताच्या दोन जिल्हयांतल्या आनी तेरा ब्लॉकांतल्या अंत्योदय कुटुंबांतल्या एसएचजी बायलांक अर्थीक मजत आनी उद्देजक प्रशिक्षण दितले जाल्यार जी-मैत्री येवजणे वरवीं ग्रामीण उदरनिर्वाहाक अनुकूल वातावरण तयार करपाक वावुरपी स्टार्टअपांक अर्थीक मजत आनी आदार दितले. सरकाराच्या यत्नांक लागून आयज सुमार देड लाख बायलो आसात, जांकां वर्सुकी येणावळ एक लाख वा ताचे परस चड आसून तीं गुजरातांत लखपती दीदी जाल्यांत.

---

आयज आंतरराष्ट्रीय बायलां दीस. राश्ट्रीय, भाशीक, संस्कृतीक, अर्थीक वा राजकी मर्यादेंतल्यान मुखार वचून बायलांनी केल्ल्या कामगिरीक वळख दिवपी हो दीस. आंतरराष्ट्रीय बायलां दिस 2025 चो विशय आसा ‘सगल्या बायलां आनी चलयां खातीर: हक्क, समता, सशक्तीकरण. हया वर्साच्या विशयांवरवी सगळ्यां खातीर समान हक्क, सत्ता आनी संदी उक्ती करपा खातीर तशेच कोणूच फाटीं उरूंक जायना हेखातीर समावेशी फुडाराचो उलो मारला.

**हालींच प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आंतरराष्ट्रीय बायलां दिसाआर्दीं नमो ॲप ओपन फोरमाचेर भारतभरांतल्या बायलांक आपले प्रेरणादायक जिवीत प्रवास सांगपाक प्रोत्साहन दिल्ले. एक खाशेलो उपक्रम म्हूण प्रधानमंत्री मोदी हांणी जाहीर केलें की वेंचून काडिल्लीं बायलां 8 मार्चाक तांचे सोशल मिडिया खातें हातांत घेवन तांचो अणभव सांगतली. बायलांचें सशक्तीकरण, जिद्द आनी येसस्वीताय हांचो प्रवास दाखोवन तांचे योगदान मनोवपाचो आनी हेरांक प्रेरणा दिवपाचो हेतू ह्या उपक्रमांत आसा.**

---

**बायलां आनी भुरग्यीं उदरगत मंत्रालय नवी दिल्लींतल्या विज्ञान भवनांत "नारी शक्ति से विकसित भारत" ह्या विशयाचेर राष्ट्रीय पांवड्यावेली परिशद घडोवन हाडटा. राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हे परिशदेचें उक्तावण करतल्यो. उक्तावण सत्राउपरांत उंचा पांवड्यावेली पॅनल चर्चा जातली. वेगवेगळ्या मळा वयल्या नामनेच्या बायल फुडाऱ्यांक एकठांय हाडून तीन तंत्रीक सत्रां घडोवन हाडटले. एक युनिक डिजिटल मिडिया आनी इंटरॅक्टीव्ह झोन चर्चा, मल्टीमीडिया प्रदर्शनां आनी कथा सांगपाच्या उपक्रमां वरवीं भारताक आकार दिवपाक बायलांचें योगदान दाखयतलो.**

---

---

**विदेश वेव्हर सचीव विक्रम मिसरी हांणी काल रशियेचे उप विदेश वेव्हर मंत्री आंद्रेय रुडेन्को हांचे कडेन द्विपक्षीय विदेश वेव्हर कार्यालयांत सल्लामसलत केल्यो. सल्ल्या वेळार दोनूय वटांनी द्विपक्षीय संबंदांच्या पुरायपनन नियाळ घेतलो आनी परस्पर हिताच्या प्रादेशिक आनी जागतीक प्रस्नांचेरूय चर्चा केलि. फाटल्या वर्सा जुलयांत मॉस्कोंत जाल्ल्या 22व्या वर्सुकी शिखर सभेंत घेतिल्ल्या निर्णयांची अंमलबजावणी करपा विशीं दोनूय वटांनी प्रगतीचो आराखडो घेतलो. ह्या भेटी वेळार विदेश वेव्हर सचीवानि रशियेचे रश्त्राध्यक्श कार्यकारी कार्यालयाचे उपमुखेलमंत्री मॅक्सिम ओरेशकिन, रशियन अध्यक्षाचे सहाय्यक युरी उशाकोव आनी उद्देग आनी वेपार उपमंत्री अलेक्सी ग्रुझदेव हांचे कडेनय बसका घेतली.**

---

**आकाशवाणी खबरा विभाग आयज आंतरराष्ट्रीय बायलां दीस वेगळ्याच तरेन मनयता. हातुंत सगळी इंग्लीश आनी हिंदी खबरा पत्रां 24 वरां खातीर बायलां वाचक सादर करतली. सगळ्यो 45 मुखेल आनी वराची खबरापत्रा तशेंच इंग्लीश आनी हिंदी भाशेंतल्यो खबरा मॅगझीन कार्यावळी बायलां वाचक वाचतल्यो. आयज पुराय दीस इंग्लीश आनी हिंदी खबरांचे पुराय कामकाज आकाशवाणीच्या खबरां सेवा विभागांतल्या सगळ्यो बायलां कर्मचारी हाताळटल्यो. तशेंच आंतरराष्ट्रीय बायलां दिसा निमतान आयज रातच्या 9.15 ते 10 मेरेन आकाशवाणी खबरा कडल्यान एक खाशेली पॅनल चर्चा कार्यावळ प्रसारीत जातली.**

---

---

**रेल्वे मंत्रालयांत बायलां लोको पायलटांत पांच पटींनी चड वाड जाल्या अशें रेल्वे मंत्रालयान सांगलां. रेल्वेमार्ग हो दादल्यांचो आस्पाव आशिल्लो क्षेत्र पूण ह्या क्षेत्रांतय बायलनि पव्ला घाल्या. लोको पायलट, स्टेशन मास्टर, ट्रॅकमन, सिग्नल मेन्टेनन्स, गार्ड, गँगमेन ह्या कर्यक्शेत्रनि बायलांनि प्रवेश केला. रेल्वेंतल्या बायलां कर्मचाऱ्यांची सद्याची तांक एक लाखां वयर आसा, जी रेल्वेच्या वट्ट बळग्याच्या सुमार 8.2 टक्के आसा.2014 वर्सा 371 बायलां लोको पायलट आशिल्ले जे आतां 1,828 जाल्यात. चडशे बायलां लोको पायलट उत्तर प्रदेशांतले आसून ताचे उपरांत तेलंगना आनी तमिळनाडूचे आसात. सुरेखा यादव ही आशियांतली पयली बायलां लोको पायलट.**

---

**फाटल्या म्हयन्यांत सुमार 225 कोटी आधार प्रमाणीकरण वेव्हार जाल्ल्याची म्हायती सरकारान दिल्या. अंदू फेब्रुवारींत सुमार 43 कोटी ई-केवायसी वेव्हार जाल्ल्यान वर्सुकी 14 टक्क्यांनी वाड जाल्या अशें इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी आयटी मंत्रालयान निवेदनांत सांगलां.**

**अंदूं फेब्रुवारीच्या निमाणे मेरेन आधार प्रमाणीकरण वेव्हाराची वट्ट संख्या 14 हजार कोटी परस चड जाल्या, जाल्यार वट्ट ई-केवायसी वेव्हार 2 हजार कोटी परस चड जाला अशें मंत्रालयान सांगलें. आधार मुखामळ प्रमाणीकरण वेव्हाराक बरे आकर्शण मेळपाक लागला. कारण फाटल्या म्हयन्यांत सुमार 13 कोटी आधार मुखामळ प्रमाणीकरण वेव्हार जाले. फेस प्रमाणीकरण वेव्हाराचे क्रमांक पयलेच खेपे सुरू जाले उपरांत 115 कोटी पार जाल्यात.**

---

**युक्रेना कडेन झुजविराम आनी शांतताय कबलात जाय मेरेन रशियेचेर व्हड प्रमाणांत मंजुरी आनी शुल्क लावपाचो खर विचार आसा अशें अमेरिकेचे रश्त्रध्यक्श डोनाल्ड ट्रम्प हांणी सांगलां. सध्या रशिया युक्रेनाक झुजाच्या मैदानाचेर पुरायपणान 'पाउंड' करता म्हणून आपूण हे कृतीचो विचार करता अशें ट्रम्प हांणी सांगलें. सत्तेर आयले उपरांत तानि रशियेचे अध्यक्ष व्लादिमीर पुतीनाची तोखणाय केल्या. ट्रम्प हनि पत्रकारां कडेन उलयतना युक्रेना कडेन वेव्हार करपाक चड कठीण जाता अशें संगुन पुतीनाचेर आपूण विस्वास दवरता अशेंय तनि सांगलें.**

---

**तेलंगणात राज्य आनी केंद्रा मदीं प्रलंबीत आशिल्ले प्रस्न सोडोवपा खातीर राज्य सरकार आयज राज्यांतल्या संसद वांगड्यांची सर्वपक्षीय बसका घेतले. उपमुखेलमंत्री भट्टी विक्रमरका हे बसकेचे अध्यक्षपद सांबाळटले. उपमुखेलमंत्र्यानि दरेका खासदाराक फोन करून बसकेक हाजीर रावपाक आपयलां. तशेंच राज्याक कसलोच अन्याय जावचो न्हय हे खातीर संसदीय मतदारसंघांची मर्यादा घालपा विशीं सर्वपक्षीय बसकेक राज्य मंत्रीमंडळान मान्यताय दिल्या.**

**भाजपाचे 8 लोकसभा खासदार आसात, तातूंत केंद्रीय कोळसो मंत्री जी किशन रेड्डी आनी घरराज्यमंत्री बी संजय कुमार हांचो आस्पाव आसा. तशेंच काँग्रेसींत तेलंगनाचे आठ लोकसभा खासदार आनी दोन राज्यसभा खासदार आसात**

---

**भारत आनी सिंगापूर हांचे मदीं काल सिंगापूरांत विदेश वेव्हर कार्यालयांतल्या सल्लागाराची 18वी फेरी जाली. भारतीय शिश्टमंडळाचें फुडारपण विदेश वेव्हर मंत्रालयांतले सचीव  जयदीप मुझुमदार हांणी केलें. सिंगापूरचे वटेन विदेश वेव्हर मंत्रालयाचे कायम सचीव ल्यूक गोह हांणी फुडाकार घेतिल्लो. सह-अध्यक्षांनी भारत-सिंगापूर द्विपक्षीय आनी बहुपक्षीय सहकार्याच्चो नियाळ घेतलो, आनी परस्पर हिताच्या प्रादेशिक आनी जागतीक गजालींचेर विचारांचो आदान-प्रदान केले.**